आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरो

23/07/2025 6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज ब्रिटन आनी मालदीवच्या चार दिसांच्या अधिकृत भोव्नडेर भायर सरले. भेटीच्या पयल्या पावन्द्यार ते ब्रिटनांचे प्रधानमंत्री केयर स्टारमर वांगडा द्विपक्षीय उलोवणी करतले तशेंच ते ब्रिटीश राजा चार्ल्स हांची भेट घेतले अशें विदेश मंत्रालयाचे सचीव विक्रम मिश्री हांणी दीली. हे भोंवडेच्या दुसऱ्या पावन्द्यार प्रधानमंत्री मोदी मालदीवाक भेट दितले. 26 जुलयाक मालदीवाच्या 60व्या स्वातंत्र्य दिसाच्या उत्सवाक ते मुखेल सोयरो म्हूण हाजीर रावपाचो आसात .ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी मालदीवचो अध्यक्ष मोहम्मद मोइजू वांगडा द्विपक्षीय उलोवणी करतले.

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी राजिनामो दिल्या उपरांत भारतीय वेंचणूक आयोगान नव्या उपराष्ट्रपती पदाखातीर वेंचणूक प्रक्रिया सुरू केल्या. घोशणा करपाचे तयारेचो एक भाग म्हूण राज्यसभा आनी लोकसभेचे नामांकीत वांगडी आशिल्ले मतदार संघांची तयारी करप, निर्णय अधिकारी आनी सहाय्यक निर्णय अधिकारी हांची निवड करप तशेच फाटल्या सगळया उपराष्ट्रपती वेंचणुकां संबंदीत कागदपत्रां तयार करप आनी प्रसारीत करपाचे काम सुरू केलां अशें आयोगान सांगलां. ह्या तयारी उपरांत उपराष्ट्रपती वेंचणुकेची अधिकृत तारीख बेगीन जाहीर जातली अशें आयोगान स्पश्ट केलां.

संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाच्या तिसर्या दिसा विरोधी पक्ष वांगड्यांनी केल्य बोवाळाक लागून संसदेच्या दोनुय सभाघरांचे कामकाज दीसभराखातीर स्थगीत केले . बिहारांतल्या वेंचणूक नोंदींच्या खाशेल्या सघन सुदारणा आनी हेर प्रस्नांचेर चर्चा करपाची मागणी विरोधी पक्षांनी केल्ली. मजगती युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडाविया हांणी राष्ट्रीय खेळां प्रशासन विधेयकआनी राष्ट्रीय अँटी डोपिंग दुरुस्ती विधेयक 2025 सादर केलें . राज्यसभेंत आयज बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी दर्या माल येरादारी विधेयक विचारांत घेवपा खातीर आनी मान्यताये खातीर मांडले पूण विरोधी पक्षांनी केल्ल्या बोवाळाक लागून चर्चा जावंक ना. उपरांत सभापतीनी निशेध करपी वांगड्यांक परतून कार्यवाही सुरू करपाची विनंती केली पूण बोवाळ चालू उर्रील्ल्यान कामकाज दिसभराखातीर स्थगीत केले.

शिमेपलतडच्या आतंकवादाक आदार दिवपी देशांक ख्यास्त दिवपाची मागणी भारताचे कायम प्रतिनिधी पी हरीश हांणी संयुक्त राश्ट्रांच्या सुरक्षा मंडळांत केल्या.( ब्त्तेस पी हरीश ऑपरेशन सिंदूर ४१ सेक ) अमेरिकेचे अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी ऑपरेशन सिंदूर प्रकरणांत हस्तक्षेप केला हो दावो पी हरिश हाणी न्हयकारलो.

भारतांत म्हायती तंत्रगिन्यानाची एक बळिश्ट पर्यावरण यंत्रणा आसा जी वर्सुकी 250 अब्ज डॉलर परस चड येणावळ जोडटा आनी स लाखां परस चड लोकांक रोजगार दिता अशें इलेक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. स्टॅनफर्ड एआय वळेरींत भारताक एआय कुशळटाय, क्षमता आनी कृत्रीम बुध्दीमत्ता वापरपाच्या धोरणांत पयल्या सुवातेर दवरला अशे आयज लोकसभेंत एका प्रस्नाक जाप दितना सांगलें. भारताच्या एआय रणनितीचो हेत भारताक कृत्रीम बुध्दीमत्तेंत संवसारीक फुडारी म्हूण स्थापन करपाचो आसा अशें तांणी मुखार सांगलें.मजगती SARKARAN वैजकी आणीबाणी हाताळपा खातीर फाटल्या तीन वर्सांत 16 लाखां परस चड रेल्वे कर्मचाऱ्यांक प्रशिक्षण दिल्ल्याचें रेल्वे मंत्री वैष्णव हांणी लोकसभेंत सांगलां.

आयज राष्ट्रीय प्रसारण दीस. १९२७ वर्सा आयच्या दिसा भारतीय प्रसारण कंपनीखाला मुंबय स्टेशनावेल्यान देशांतलें पयलें रेडिओ प्रसारण सुरू जालें. ८ जून १९३६ दिसा भारतीय राज्य प्रसारण सेवेचें अखिल भारतीय रेडिओंत रुपांतर जालें. ऑगस्ट १९३७ त केंद्रीय खबरां संस्था अस्तित्वांत आयली. 1956 वर्सा आकाशवाणी हें नांव आपणायलें. 1957 वर्सा विविध भारती सेवा सुरू जाली. १९२७ सावन रेडिओ हो देशांतल्या लोकांच्या जिविताचो म्हत्वाचो भाग जावन आसा आनी बहुजन हिताय, बहुजन सुखाय या आपल्या ब्रीदवाक्याप्रमाण रेडिओ भौसाक गिन्यान मनरिजवण आनी म्हायती दिवपाक वावुरता.

भारतीय हवामान खात्यान फाल्या २४ जुलायक गोयात पावसाचो रेड अलेर्ट जारी केला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या स दिसांत कोंकण, गोंय आनी मध्य महाराष्ट्रांतल्या काय सुवातेर चड पावस पडपाची शक्यताय आसा.

ऑलिंपिक पदक विजेती पीव्ही सिंधु हिणे चांगझूत जाल्ल्या चायना ओपन सुपर 1000 बॅडमिंटन सर्तींत जपानांच्या तोमोका मियाझाकीआड जैत जोडले .